पणजी प्रादेशिक खबरो १६.०१.२०२५ सकाळी ७.२५ वरा

गोंयांत आशिल्ली TECHXCL INDIA PRIVATE LIMITED कंपनी भारतीय नवं उद्योग परिसंस्थानी उमेदीचीं ल्हारां निर्माण करता. कृत्रिम बुद्धी, ऑटोमेशन, आनी डेटा विश्लेशण सारकिल्या प्रगत तंत्रज्ञानांचो मेळ घालपी अत्याधुनीक उत्पादन आनी सेवा विकसीत करपाचेर कंपनी लक्ष केंद्रीत करता. कंपनी जटिल वेवसायीक समस्या सोडोवपी, कार्यकारी कार्यक्षमताय वाडोवपी, डिजिटल परिवर्तन चालीक लावपी आनी नवनिर्माण चालीक लावपी उपाय दिता. तांच्या उत्पादनांत कृत्रीम बुद्धीमत्ता-आदारीत सुविधा, स्मार्ट ऑटोमेशन सिस्टीम आनी डेटा-चालित साधनांचो आस्पाव जाता. हाका लागून कामगिरी वाडोवपाक आनी कंपनींक नेटान विकसीत जावपी बाजारांत स्पर्धात्मक रावपाक मेळचे अश्या पद्धतीन उत्पादनां रचना केल्या. अशे तरेन हें स्टार्टअप आपल्या मळार गेम चेंजर जालां. TECHXCL INDIA PRIVATE LIMITED हांणी राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार वळख मेळयल्या. कंपनीन नामनेच्या डेन्मार्क स्टार्टअप एक्स्पोंत भारताचें प्रतिनिधित्व केलें आनी हाजीर आशिल्ल्या जागतीक प्रेक्षकांमुखार आपले अत्याधुनीक उपाय सादर केले. हेवरवी तंत्रज्ञान मुखार व्हरपा खातीर फकत TechXCL च्या बांदीलकायेचेर भर दिलो ना, जाल्यार स्टार्टअप पर्यावरण प्रणालींत नवनिर्माण चालीक लावपाक ताची भुमिका दाखयली. हाचे भायर भारताच्या मानादीक प्रधानमंत्र्यांच्या "मन की बात" ह्या फामाद रेडिओ कार्यावळीतय कंपनीक वळख मेळोवपाचो सन्मान मेळ्ळो. ह्या कामगिरींतल्यान तंत्रीक उदरगत घडोवन हाडपाक आनी स्टार्टअप मळार भारताची जागतीक सुवात घटमूट करपाक कंपनीची म्हत्वाची भुमिका स्पश्ट जाता.

बायंगिणी कोयर प्रकल्प पुराय तिसवाडी म्हाला खातीर उपेगी आशिल्ल्यान हो प्रकल्प जातलोच, अशें कोयर वेवस्थापन खात्याचे मंत्री बाबूश मोन्सेरात हांणी स्पश्ट केलें. दर वाडिल्ल्यान प्रकल्पाची निविदा नव्यान जारी करतले. निविदा

जारी जावन ऑगस्ट मेरेन काम सुरू जातलें, अशेंय मंत्री बाबूश मोन्सेरात हांणी सांगलें. कोयर वेवस्थापन मंडळाचे बसके उपरांत उलयतना मंत्री मोन्सेरात हांणी ही म्हायती दिली. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे अध्यक्षतेखाला जाल्ले बसकेक पर्यावरण मंत्री अलेक्स सिक्वेरा आनी हेर अधिकारी हजर आशिल्ले.

बायंगिणी कोयर प्रक्रीया प्रकल्पाक ह्यान पयलींच सगळे तरेची मान्यताय मेळ्ळया. सर्वोच्च न्यायालयानूय विरोधांतल्यो याचिका भायर मारल्यात. हाका लागून आतां प्रकल्पाक विरोध करपाक अर्थ ना. पर्यावरणाचो सांबाळ करपा खतीर सगळे तरेची जतनाय घेतले, अशें तांणी मुखार सांगलें. प्रकल्पाचो आराखडो तयार करून निविदा तीन वर्सां पयलीं जारी जाल्ली. निविदा जारी जावनूय तेन्ना काम सुरू जावंक ना. आतां दर वाडला. हाका लागून नवी निविदा जारी करतले. दोन म्हयन्यांनी निविदा जारी जावन ऑगस्ट मेरेन काम सुरू जातलें. प्रकल्प पुराय जावपाक दोन वर्सां लागतलीं. भारतीय पुरातत्व विभाग तशेंच सगळ्या यंत्रणांनी कोयर प्रक्रीया प्रकल्पाक मान्यताय दिल्या, अशे मंत्री मोन्सेरात हांणी सांगलें.

राज्यात इंटरनेट सुविधा दीवपी वेवसायिकांक 31 जानेवारीमेरेन गोंय म्हायती आनी तंत्रगिन्यान खात्याकडे नोंदणी करप ह्यानफुडे  सरकारान गरजेचे केला .जे वेवसायिक ही नोंदणी करीनात तांचे इंटरनेट केबल काडुन उडोवपाचो निर्णय ह्यावेळार जाला.मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत,म्हायती आनी तंत्रगिन्यान खात्याचे मंत्री रोहन खंवटे तशेंच मुखेल सचिव डा.वी केन्डावेलु हांच्या हजेरीत आयज इंटरनेट सेवा,तशेंच ह्या केबलाच्यो वायरी लावपाची चुकीची पद्धत,तशेंच राज्यातल्या इंटरनेट सेवा दीवपी वेवसायिकांची म्हायती आनी तंत्रगिन्यान खात्याकडे नोंदणी हे विंशी ह्यावेळार चर्चा जाली.

ब्रेस्तारा 16 तारखेक पणजेंत, राष्ट्रीय स्टार्टअप दिसा निमतान,गोंय सरकाराच्या म्हायती तंत्रज्ञान, इलेक्ट्रॉनिक्स आनी संचारण विभागांतल्या स्टार्टअप आनी आयटी प्रमोशन सेल (SITPC) तर्फे स्टार्टअप समाजाक एकठांय हाडपाच्या नवे संदी निर्माण

करपाच्या हेतान एक खाशेली कार्यशाळा घडोवन हाडटले. ही कार्यशाळा दनपारां 2:30 ते सांजे 7 मेरेन जातली. ही कार्यशाळा स्टार्टअप संस्थापक, उद्‌देजक, नवनिर्माते, मार्गदर्शक, आनी वेगवेगळ्या भागधारकां खातीर गिन्यान वांटप, नेटवर्किंग, आनी नाविन्यपूर्णतेचे आदानप्रदान करपा खातीर एक म्हत्वाची माची आसतली. ह्या वेळार वेगवेगळ्यो कार्यशाळा, नाविन्यपूर्ण उपाययोजना, आनी प्रात्यक्षिका सादर करतले, जाका लागून भाग घेवप्यांक तांची वेवसायीक संकल्पना आनी कुशळटाय सुदारपाची संद मेळटली.

राज्य सरकारान आतां राज्यांतल्या शारांक मेट्रो कडेन जोडपाची येवजण तयार केल्या. ते खातीर उण्यांत उणे पांच हजार कोटी रुपया खर्च जातले अशी अपेक्षा आसा. कोंकण रेल्वे म्हामंडळा वरवीं हो प्रकल्प चालीक लावपा खातीर राज्य सरकारान अर्थसंकल्पीय तरतुदीची करपाची मागणी केल्या.